# राष्ट्रीय खबरो २८.११.२०२५ @ ८.४० AM

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज लखनौक भेट दितली आनी थंय ती दोन कार्यावळींनी वांटो घेतली

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज कर्नाटक आनी गोंयाक  भेट दितले.

यूजीसीन  उच्च शिक्षण संस्थांक वेळार परीक्षा, निमणी पदवी आणि प्रमाणपत्रां बेगोबेग  जारी करपाची खात्री करपाक सांगला.

आयज गुजरातात, एएफसी १७वर्सां पिराय सकयल्ल्या आशियाई कप सौदी अरेबिया २०२६ पात्रताय फेरीयेच्या गट डीच्या खेळात भारत लेबनॉन पंगडा आड खेळतलो

मुर्मू 40

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज लखनौक भेट दितली आनी थंय ती दोन कार्यावळींनी वांटो घेतली. ब्रह्मकुमारीच्या 2025-26 वर्साच्या वर्सुकी विशयाच्या 'मेडिटेशन फॉर ग्लोबल युनिटी अँड ट्रस्ट' हाच्या उक्तावण सुवाळ्याक ती हाजीर आसतली. त्याच दिसा राष्ट्रपती भारताच्या स्काऊट आनी गाईड्सच्या हीरक महोत्सवी समारंभाच्या समारोप सुवाळ्यात वाटेकार जातली

पीएम 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज कर्नाटक आनी गोंयाक  भेट दितले. मोदी कर्नाटकांतल्या उडुपी शारांतल्या श्रीकृष्ण मठाक भेट दितले आनी लक्ष कंठ गीता परायण कार्यावळींत वांटो घेतले. तशेंच कृष्ण गर्भगृहा मुखार आशील्ल्या सुवर्ण तीर्थ मंडपाचें उक्तावण करतले  आनी पवित्र कनकण किंडी खातीर कनक कवच समर्पित करतले. उपरांत शारदा पंच शत महोत्सवा निमित्त  गोंयांत श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाली जीवोत्तम मठाच्या ५५० व्या वर्षाच्या समारंभात प्रधानमंत्री वांटो घेतले. मठांत श्री रामाच्या 77 फूट उंचायेच्या कांस्य पुतळ्याचें अनावरण करतले आनी रामायण थीम पार्क गार्डनाचें उक्तावण करतले. ह्या निमतान प्रधानमंत्री उपस्थितकडे संवाद साधतले  आनी तशेंच विशेष टपाल तिकिट आणि स्मारक नाणेय प्रकाशित करतले.

सीएम गोवा 50

हो पुतळो गोंयच्या धर्मिक पर्यटनाक उरबा दिवपी थारतलो असो विस्वास गोयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. आज अडीच वराचेरं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी गोंयांत पावतात तशेंच ह्या कार्यावळी बरोबरुच गोंयांत आज पणजीत इप्फीचो समारोप सुवाळो साडेपाच वराचेर जातलो. ह्या दोनुय कार्यावळीक गोयकारांनी व्हडा आकडयान हाजेरी लावची अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

Byte cm पर्तगाळ

UGC 60

विद्यापीठ अनुदान आयोग, यूजीसीन उच्च शिक्षण संस्थांक वेळार परीक्षा, निमणी पदवी आणि प्रमाणपत्रां बेगोबेग जारी करपाची खात्री करपाक सांगला.आयोगान म्हणला की कळावाक लागुन विद्यार्थ्यांची संधी वगडावतात आनी तांका योग्य आणि दर्जेदार रोजगार मेळपा पासत ते आडावतात. निकाल जाहीर जाले उपरांत 180 दिसां भितर विद्यार्थ्यांक पदवी मेळपाचो अधिकार आसा अशें आयोगान मुखार सांगला.आयोगान सांगला की, नियमांचे पालन केलेना तर दंडात्मक कारवाय करपाचो तांका अधिकार आसा.

पीएम 40

टी-20 विश्वचषक जिखपी बायलांच्या दृष्टीहीन दिव्यांग क्रिकेट पंगडाची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी भेट घेतली. ह्या पंगडान मोदीक स्वाक्षरी केल्ली बॅट भेटयली. कोलंबोंत जाल्ले निमाणे मॅचींत बायलांच्या क्रिकेट पंगडान नेपाळाक सात विकेटींनी हारयले. खेळगड्यांनी आपले प्रेरणादायक अणभव सांगले अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान म्हणला

इफ्फी 110

गोंयच्या पणजीत जाल्ल्या भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी नामनेचे सिनेमाटोग्राफर आनी फिल्म निर्माता के.वैकुंठ यांच्या सन्मानार्थ एक स्मारक टपाल तिकिट जारी केले. गोंयचो सिनेमा कडेन संबंद येवचे पयलीं लेगीत के. वैकुंठ हानी चित्रपटसृष्टीर एक छाप सोडली अशे हे वेळार उलयताना मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हानी म्हणले.ते एक अशे मनीस, जाच्या कॅमेऱ्यान क्लासिक भारतीय चित्रपटाची दृश्य भाषा आकारली अशे तानी म्हळे.  वैकुण्ठ हांच्या खाशेल्या शैलींत भव्यता आनी सौम्य, सूक्ष्म मनशाच्यो भावना अशे दोनूय प्रकार टिपल्यात अशें तांणी फुडें सांगलें. इफ्फी 2025 आयज गोंयांत भव्य समारोप सुवाळ्यान सोंपता, जातूंत महान अभिनेता धर्मेंद्राक श्रद्धांजली ओपतले. २० नोव्हेंबराक सुरू जाल्ल्या ह्या महोत्सवांत ८१ देशांतले २४० वयर चित्रपट दाखयले, तातूंत संवसारीक सिनेमांतल्या उत्कृश्ट चित्रपटांचेर भर दिलो.

हांग्कांग 45

हांग्कांगांत एका अपार्टमेंट कॉम्प्लेक्सांत उज्याक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 94 जाला.280 परस चड लोक बेपत्ता आसात, जाल्यार जायते लोक अजूनय इमारतींनी आडखून पडल्यात म्हणून हो आंकडो वाडूंक शकता अशे अधिकारयांनी म्हणला. वट्ट 76 जाण जखमी जाल्यात, तातूंत 15 जाणांची स्थिती अति गंभीर आनी 28 जाणांची स्थिती गंभीर आसा.

राजनाथ 65

भारत आनी इंडोनेशियाचे हजारांनी वर्सां आदींचे सांस्कृतीक संबंद आसात अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी म्हणला. दोनूय देश इतिहासीक, संस्कृतीक आनी सभ्यता संबंध सामायिक करपी दर्यादेग शेजारी आसात अशें तांणी सांगलें. नवी

दिल्लींत जाल्ल्या तिसऱ्या भारत-इंडोनेशिया संरक्षण मंत्र्यांच्या संवादांत संरक्षण मंत्र्यान उक्तावण उलोवप केलें.byte

Modi 80

भारताचे अंतराळ क्षेत्र संवसारीक गुंतवणूकदारां खातीर एक  आकर्शक सुवात जावपाक लागला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. स्कायरूटच्या इन्फिनिटी कॅम्पसाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत व्हिडियो कॉन्फरन्स वरवीं उलयतना मोदी हांणी भारताच्या अंतरिक्ष क्षेत्रांत सरकारान जायत्यो इतिहासीक सुदारणा केल्यात अशें स्पश्ट केलें. खाजगी नवनिर्माणा खातीर सरकारान अंतरिक्ष क्षेत्र उक्तें केलां, जाका लागून स्टार्टअप आनी उद्देगधंद्यांक देशांतल्या शास्त्रीय पर्यावरण प्रणाली वांगडा लागींच्यान काम करपाक मेळटलें अशें तांणी सांगलें. BYTE

जीएसटी 50

नरेंद्र मोदी सरकारान जायत्या क्षेत्रांनी जीएसटी दर उणे केल्ल्यान देशभरांतल्या नागरिकांक फायदो जाल्ल्यान जीएसटी बचत महोत्सव 22 सप्टेंबरासावन मनयतात. next generation GST सुदारणां वरवीं स्टेशनरी वस्तूंचे दर उणे करून स्टेशनरी क्षेत्राक बरी चालना मेळ्ळी. सुदारीत कर संरचने खाला पेन्सिल, शार्पनर, खोडरबर, क्रेयॉन, ग्राफ बुक, नकाशे आनी चार्ट हांचेर जीएसटीक पुरायपणान सुट दिल्या.

तेलंगणा 60

राज्यांतल्या ग्रामपंचायत वेंचणुकेचे फाटभुंयेर तेलंगणा राज्य वेंचणूक आयोगान खंयचीय कागाळ नोंद करपा खातीर 'कागाळ मॉड्यूल' उगडलां. कागाळ दाखल करचे पयलीं लोकांनी नोंदणी करची पडटा, जाचे प्रगतीचो फाटपुरावो करूंक मेळटा. हो उपक्रम लोकशाय घटमूट करपा खातीर आणि लोकांक सक्रीयपणान वांटो घेवन पारदर्शक आनी जापसालदार वेंचणुकेक चालना दिता आनी तांचे मदीं जापसालदारकेची भावना निर्माण करता अशें आयोगान सांगलें .पयल्या टप्प्या खातीर उमेदवारी स्वीकारपाची प्रक्रिया काल सुरू जाली.

सेबी 60

भांडवली बाजार नियामक सेबीन नूतनीकरण शुल्क भरूंक नाशिल्या बद्दल ६८ गुंतवणूक सल्लागारांची नोंदणी रद्द केली. सेबीच्या आयए (गुंतवणूक सल्लागार) नियमां प्रमाण प्रत्येक नोंदणीकृत गुंतवणूक सल्लागाराक नियामकान नोंदणी मंजूर केल्याच्या तारखेपासून दर पाच वर्सांनी नूतनीकरण शुल्क भरचे पडटा. नियामकाने नमूद केले की सल्लागारां क या चुकांबद्दल खबर असूनही त्यांनी पैशे भरले ना. सेबीन या वर्सा फेब्रुवारी ते जून मजगती संस्थांक कितल्योशोच कारण दाखया नोटीसी धाडल्यात.

मेळावो 70

४४ वो भारत आंतरराष्ट्रीय व्यापार मेळावो काल नवी दिल्लीत भारत मंडपमात संपन्न जालो. या वरसा मेळाव्याचो मथाळो एक भारत श्रेष्ठ भारत आशिल्लो. मेळव्याच्या निमण्या दिसा वेगवेगळ्या श्रेणींत पुरस्कार प्रदान समारंभ आयोजित केल्लो. भागीदार राज्यांच्या श्रेणीत राजस्थानान भांगरापदक जिंकले, तर झारखंडान

फोकस राज्य श्रेणीत भांगरापदक जिंकले. राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशांच्या श्रेणीत ओडिशान भांगरापदक जिंकले, मध्य प्रदेशक रुप्या आणि पुद्दुचेरीक कांस्यपदक मेळले. मंत्रालय आणि विभागांच्या श्रेणीत संरक्षण मंत्रालयान भांगरापदक जिंकले आणि खण मंत्रालयाक रुप्यांपदक मेळले

ANNOUNCEMENT 70

भारताची भौशीक सेवा प्रसारक, प्रसार भारती संलग्न अधिसुचोवणे प्रमाण दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या rnu फाट्यात पूर्णवेळ कंत्राटी पद्दतीन कॉपी एडिटर पदाखातीर अर्ज मागयल्या . 2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणी अशी वट्ट 3 पदां उपलब्ध आसात. ही पदां एका वर्सा खातीर अधिक माहिती खातीर avedan.prasarbharati.org वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

स्पोर्ट्स 50

आयज गुजरातात, एएफसी १७वर्सा पिराय सकयल्ल्या आशियाई कप सौदी अरेबिया २०२६ पात्रताय फेरीयेच्या गट डीच्या खेळात भारत लेबनॉन पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ सांजे ७.३०क जातलो.

IMD 60

हवामान खात्यान पंजाबांत आयज थंड ल्हारांचो अदमास दिला. हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी धुकें पडपाचो अदमास दिला . अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर वीज आनी वादळांवांगडा गडगड आणि नेटाचे वारे व्हावंपाची शक्यताय आसा.